<u>राष्ट्रीय खबरो</u>

१७.०२.२०२६ 6.३० pm

<u>एआय 90</u>

इंडिया एआय इम्पॅक्ट एक्स्पो २०२६ हो कल्पना, नवोन्मेष आणि हेतू हांचो एक शक्तिशाली संगम आसा अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी सोशल मीडिया पोस्टात म्हणला.जागतिक हिताखातीर कृत्रिम बुद्धिमत्तेच्या फुडाराक आकार दिवपाक भारतीय प्रतिभेची असाधारण क्षमता या एक्स्पोत दिसून येता अशे ताणी म्हण्ला.मानवी प्रगती खातीर एआयचो जबाबदारीन समावेशकपणान आणि व्हडा प्रमाणात वापर करपाच्या सरकारच्या वचनबद्धतेक हाका लागुन परत पुश्टी मेळटा अशे ताणी म्हळा. प्रधानमंत्री मोदींनी काल नवी दिल्लीत भारत मंडपमान इंडीया एआय इम्पॅक्ट एक्स्पो २०२६ चे उकावण केले. एआयतल्या देशाची प्रगती फक्त देशा खातीर परिवर्तनकारी उपायांक आकार दितलो अशे न्हय तर जागतिक प्रगती कय हातभार लायतलो अशे ताणी म्हळां

<u>कांत 70</u>

ग्लोबल साउथातल्या नागरिकांचे जीवन बदलपाक एआयची शक्ती वापरू येता अशे नीती आयोगाचे आदले सीईओ अमिताभ कांत हाणी सांगले. नवी दिल्लीत जाल्या इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिट २०२६ च्या दुसऱ्या दिसा उल्यताना कांत हाणी म्हणाले की, एआय दळदीर रेशेखाला लोकां मेरेन पावतले हाची खात्री करप आणि शिक्षण आणि पोषण मानका सुधारप गरजेचेआसा. त्यांनी भर दिलो की, भारत अमेरिकेपेक्षा ३३ टक्के चड डेटा प्रदान करता आणि ग्लोबल साउथातल्या डेटाच्या आधारान व्हड भाषा मॉडेल्स बरे जातात.

<u>पटेल 60</u>

भलायकी राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल यांनी भारतातल्या भलायकी सेवेखातीर एआय स्ट्रॅटेजी (SAHI) लॉंच करपाची घोषणा केली. ही एक राष्ट्रीय मार्गदर्शक चौकट आसा जी राज्यां, नियामक आणि खाजगी कार्यक्रमांमदी जबाबदार एआय स्वीकारपाक तेको दिवपाक आसा. नवी दिल्लीत इनोव्हेशन टू इम्पॅक्ट - एआय अॅज अ पब्लिक हेल्थ गेमचेंजर या राउंडटेबल परिषदेत उपस्थितांकडे उलयताना सुश्री पटेल हाणी म्हणले

की, एआय इम्पॅक्ट समिट २०२६ वेळार SAHI उपक्रम सुरू करतले (BYTE - अनुप्रिया पटेल)

<u>प्रधान 70</u>

एआय आणि शिक्षण एकमेकांक पूरक आसात अशे AI समीटात उलयताना केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाणी म्हळे.भारतात एआयची सीमा वाडोवपाविशी उलयताना प्रधान हाणी म्हणाले की, सध्या देश ज्ञानकेंद्रित समाज जावपाच्या दिशेन वाटचाल करता. भारतासारख्या बहुआयामी देशात प्रणालीची गुंतागुंत समजून घेवपाक आणि त्याचो वापर भौशिक कल्याणा खातीर करपाक एआय हे एक महत्त्वाचे साधन आसा, अशे प्रधान यांनी नमूद केले. मंत्र्यांनी तरणाट्यांक तंत्रज्ञानाची सखोल समज विकसित करपाचे आणि फुडारात एआय चालित जागतिक ज्ञान केंद्र करपाचे आवाहन केले.

<u>शहा 100</u>

केंद्रीय गृह आणि सहकार मंत्री अमित शहा यांनी आज गांधीनगर हांगाच्या महात्मा मंदिरात राज्य आणि केंद्रशासित प्रदेशांच्या सहकार मंत्र्यांच्या उच्चस्तरीय राष्ट्रीय परिषदेचे "मंथन" उक्तावण केले. एक दिस चलपी  बसकेत, केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह जगातल्या सगळ्यात व्हड धान्य साठवणूक योजनेअंतर्गत दोन लाख नवीन बहुउद्देशीय पीएसी स्थापन करपाच्या प्रगतीचो आणि आधुनिक गोदामांच्या देशव्यापी विस्ताराचो नियाळ घेतले.

<u>चौहान 70</u>

केंद्रीय कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान यांनी जयपूरातल्यान शेतकऱ्याचो डिजिटल साथीदार 'भारत विस्तार' लाँच केलो. या उपक्रमाचे उद्दिष्ट शेतकऱ्यांना स्मार्ट, सक्षम आणि माहितीन समृद्ध करप आसा.

<u>स्पोर्ट्स 20</u>

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषकांत,मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत जावपी गट सी मॅचींत स्कॉटलंड नेपाळा आड खेळतले. सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

वेदर 50

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडांत काय सुवातिनी पावस वा बर्फ पडपाचो अदमास काडला. फाल्यां मेरेन दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, राजस्थान आनी अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर वीज आनी खर वारया वांगडा गडगड येवपाची शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलां. दर्यादेगेवेल्या कर्नाटकांत आयज उश्ण आनी दमट हवामानाची अदमास उक्तायल्या. फाल्यां मेरेन ओडिशाच्या कांय सुवातींनी दाट धुकें उरतले .